**<u>राजभवन चॅपेलांत 15 ऑगस्टाक फेस्ताची प्रार्थना</u>**

ता. 14 ऑगस्ट 2023

राजभवन चॅपेलांत फाल्या ता. 15 ऑगस्ट 2023 दिसा फेस्ताची प्रार्थना (मीस) जातली. सकाळी 10.00 ते 11.30 मेरेन मीस जातलो. सकाळी 9.00 वरां सावन लोकांक प्रवेश दितले. फोटो वळखपत्र दाखयल्या उपरांत भक्तांक मुखेल प्रवेश गेटीतल्यान प्रवेश दितले. फेरीवाल्यांक राजभवनाच्या गेटी भितर स्टॉल घालपाक परवानगी आसची ना. पुण तांकां गेटी भायर स्टॉल घालपाक दितले.

भक्तांनी आपली वाहनां राजभवन हॅलीपॅड वाठारांत पार्क करची आनी कसलेय तरेचे हॅण्डबॅग वांगडा हाडचें न्हय. सुरक्षेच्या कारणाक लागून भक्तांनी दनपारां 1.00 मेरेन राजभवना भायर पडपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/636

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.